Panaji National 27th January, 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत नॅशनल कॅडेट कोर्पस - एनसीसीच्या वर्सुकी रॅलींत उलोवप करतले.
- उत्तराखंडांत आयच्यान समान नागरी संहिता (यूसीसी) लागू जातली.
- उत्तर प्रदेश सरकारान प्रयागराजाचो महाकुंभ वाठार आयच्यान वाहन मुक्त वाठार जाहीर केला.
- बायलां हॉकी इंडिया लीगांत  काल रांचींत जाल्ले फायनलींत ओडिशा वॉरियर्सान जेएसडब्ल्यू सुरमा हॉकी क्लबाचेर जैत मेळोवन पयलें खिताब जिखलां.

**PM NCC RALLY – 70**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लीत कारियाप्पा परेड मैदानाचेर नॅशनल कॅडेट कोर्पस - एनसीसीच्या वर्सुकी रॅलींत उलोवप करतले. अंदूच्या रॅलीचो मुखेल विशय आसा युवा शक्त विकसीत भारत. ह्या काऱ्यक्रमांत आठशें परस चड कॅडेट सांस्कृतीक कार्यावळी सादर करतले. तातूंत राष्ट्र निर्मिती खातीर एनसीसीची वचनबद्धताय दाखयतले.तशेंच 18 इश्टागत देशांतले 144 कॅडेट हे रॅलींत वांटो घेतले.

मेरा युवा भारत, शिक्षण मंत्रालय आनी आदिवासी वेव्हार मंत्रालयांतले 650 परस चड स्वयंसेवक हे रॅलींत खाशेले सोयरे म्हूण वांटो घेतले.

**UTTARAKHAND – UCC - 150**

उत्तराखंडांत आयच्यान समान नागरी संहिता (यूसीसी) लागू जातली आनी असो कायदो चालीक लावपी हें पयलें राज्य थारतलें. कायदो चालीक लावपा खातीर नेमांक मान्यताय दिवप आनी संबंदीत कर्मचाऱ्यांक प्रशिक्षण दिवपा सयत सगली तयारी पुराय जाल्या अशें मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी सांगलें. सगळ्या नागरिकांखातीर समान हक्क सुनिश्चित करून, वैयक्तिक नागरी कायद्यांचे

प्रमाणीकरण करप हे UCC चे उद्दिष्ट आसा. हाचे खाला जात, धर्म आनी लिंग ह्या आदाराचेर नागरी हक्कांत भेदभाव करपी सगळ्या कायद्यांत एकरूपता हाडपाचो यत्न केला अशें  धामी हांणी सांगलें. उत्तराखंडांत 2022 वर्सा जाल्ले विधानसभा वेंचणुकेंत यूसीसीची अंमलबजावणी ही भारतीय जनता पक्षाची एक मुखेल वचनबद्धताय आशिल्ली. राज्य मंत्रीमंडळान हालीं कायद्याची अंमलबजावणी करपा खातीर नेम आनी कायदे मान्य करून तो चालीक लावपाची तारीख थारावपाक मुख्यमंत्र्याक अधिकार दिल्लो.
ह्या कायद्याच्या अंमलबजावणीकी लागून अनुसूचित जमाती सोडल्यार राज्यातील सगळ्या नागरिकांक लग्न, घटस्फोट, वारसो आनी मालमत्तेचे हक्क यासारख्या वैयक्तिक बाबींत समान नेम आनी हक्क मेळटले. हाचे खाला सगळ्या लग्नां आनी live-in relationshipची  नोंदणी अनिवार्य केल्या.

**MAHAKUMBH-NO VEHICLE ZONE - 60**

उत्तर प्रदेश सरकारान प्रयागराजाचो महाकुंभ वाठार आयच्यान वाहन मुक्त वाठार जाहीर केला. 29 जानेवारीक मौनी अमावस्या निमतान अपेक्षीत व्हड गर्दीचें सुरळीत वेवस्थापन करपा खातीर हो निर्णय घेतला. गर्देचेर नदर दवरपा खातीर आनी संगमांत भक्तांची गर्दी नियंत्रीत करपा खातीर एकात्मिक नियंत्रण आणि कमांड सेंटर सक्रिय केलां. आणीबाणीक तोंड दिवपा खातीर चड गर्दी आशिल्ल्या वाठारांनी रॅपिड ॲक्शन फोर्सांची नेमणूक केल्या अशी म्हायती आमच्या प्रतिनिधींन दिली.

**Amit Shah Prayagraj – 50**

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह आज उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजाक भेट दिवन महाकुंभांत वांटो घेतलो. तशेंच गंगा, यमुना, पौराणीक सरस्वती न्हंयांचे संगम आशिल्ल्या त्रिवेणी संगमाच्या पवित्र उदकांत शाह पवित्र स्नान करतले. गृहमंत्री शंकराचार्य, पुरी आनी शंकराचार्य, द्वारका सयत जायत्या संतांक मेळटले अशी अपेक्षा आसा. महा कुंभ 13 जानेवारी सावन सुरू जाल्लो आनी 26 फेब्रुवारी मेरेन चलतलो.

**Shivraj farmers – 85**

केंद्र सरकार शेतकऱ्यांच्या सक्षमीकरणाखातीर आणि समृद्धीखातीर सगळे प्रयत्न करता अशे केंद्रीय कृषी आणि शेतकरी कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी सांगले. नवी दिल्लींत 76व्या प्रजासत्ताक दिसा निमतान सरकारान खासा आपयल्ल्या शेतकारां कडेन संवाद सादतना तांणी अशें सांगलें. चौहान हांणी आधुनीक शेतकी तंत्राचें म्हत्व उक्तायलें आनी शेतकारांच्या प्रस्नांक तोंड दिवपा खातीर तंत्रगिन्यानाचो वापर जाता अशें सांगलें. शेतकारांक आपलें उत्पादन थेट गिरायकांक विकपाक मेळचें, मध्यस्थांची भुमिका उणी करप आनी शेतकारांक चडांत चड फायदो मेळचो असो हेतू आशिल्ल्या शेत ते गिरायक मॉडेल चालीक लावपाचेर मंत्र्यांनी भर दिलो.

**Goyal Oman – 80**

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयल मस्कटांत जावपी संयुक्त आयोगाचे इकरावे बसकेक हाजीर रावपा खातीर आयच्यान दोन दिसांच्या भेटीचेर ओमानाक वतले. ह्या भेटी वेळार गोयल ओमानचे वाणिज्य, उद्योग आणि गुंतवणूक प्रोत्साहन मंत्री, कैस बिन मोहम्मद बिन मूसा अल-युसेफ हांचे कडेन उलोवणी करतले. दोनूय मंत्री वेपार, गुंतवणूक, आनी संवसारीक अर्थीक परिस्थितीचेर व्यापक चर्चा करतले. वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान आपल्या निवेदनांत म्हणलां की,गोयल हांच्या ह्या भेटेक लागून ओमाना कडेन वेपार आनी गुंतवणूक संबंद वाडटले आनी दोनूय देशां मदले परस्पर संबंद घटमूट जातले.

**Vaishnaw – 75**

म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी काल नवी दिल्लींतल्या आकाशवाणी भवनांत, 76व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या परेडाक हाजीर आशिल्ल्या खाशेल्या सोयऱ्यां कडेन संवाद सादलो. समाजा खातीर सतत वावुरपी सगळ्या अतिथींचो उल्लेख प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मन की बात कार्यावळींत केला अशें वैष्णव हांणी सांगलें. आकाशवाणी न्यूजकडेन खास संवाद सादताना वैष्णव हाणी म्हळें की, प्रधानमंत्री मोदी हाणी तांच्या मन की बात कार्यक्रमा वरवीं लोकांनि केलल्या प्रेरणादायी कार्याचो प्रसार केला. ह्या काऱ्यक्रमांत वट्ट 139 खाशेले सोयरे हाजीर आशिल्ले.

SHAH- RALLY - 115

आयुष्मान भारत येवजणेंतल्यान दिल्लीच्या लोकांक वंचित दवरिल्ले खातीर भारतीय जनता पक्षाचे वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी आम आदमी पार्टीचे निमंत्रक अरविंद केजरीवाल हांचेर टिका केल्या. काल नवी दिल्लीत नरेला हांगा रॅलीक संबोधीत करतना शाह हाणी भाजपा सत्तेर आयल्यार सगळ्या नागरिकांक 10 लाख रुपया मेरेन फुकट उपचाराची सुविधा दितले अशें उतर दिलें. केजरीवाल हांच्या सत्तेंत दिल्लीची मुळावी बांदावळ कोसळ्ळ्या असो आरोप तांणी केला. फाटल्या धा वर्सांत डबल इंजिन सरकार स्थापन जाल्ल्यान जायती राज्यां उंचायेचेर पावल्या पूण दिल्ली अजूनय उदक साचप, दूषित उदकाची पुरवण आनी कोयर ह्या प्रस्ना कडेन झुंजता अशें तांणी सांगलें. केजरीवाल हांणी यमुना न्हंय निवळ करूंक ना असो आरोप करून भाजपा सत्तेर आयल्यार न्हंय निवळ करपाचे दिकेन वावुरतली अशें उतर तांणी दिलें.

**Hockey HIL - 75**

बायलां हॉकी इंडिया लीगांत ओडिशा वॉरियर्सान पयलें खिताब जिखलां. काल रांचींत जाल्ले फायनलींत ओडिशा वॉरियर्सान जेएसडब्ल्यू सुरमा हॉकी क्लबाचेर 2-1 अशा फरकानं जैत मेळयलें. रुतुजा दादासो पिसालाक ताच्या दोन म्हत्वाच्या गोलांक लागून Player of the Match खिताब फावो जालो. पुरस्कार सुवाळ्यांत झारखंडाचे मुख्यमंत्री हेमंत सोरेन हांणी ही ट्रॉफी ओडिशा वॉरियराची कर्णधार नेहा गोयलाक भेटयली. सोशल मिडिया पोस्टांत सोरेन हाणी एचआयएलांत आपलो अद्भुत खेळ दाखोवपी हेर सगळ्या पंगडांक आनी तांच्या खेळगड्यांक परबीं आनी शुभेच्छा दिल्यो.

---

**ISL – 100**

इंडियन सुपर लीग (ISL) फुटबॉल सर्तींत काल रातीं मुंबय सिटी एफसीन मोहम्मद एससीचेर 3-0 अशे जैत मेळयलें. मुंबय फुटबॉल अॅरेनाचेर जाल्ले मॅचीच्या पयल्या 11 मिनटांनी मुंबय सिटी खातीर गौरव बोरा ओजी, ललियानझुआला छंगटे आनी थायर क्रोमाह हांणी 3 गॉल केल्ले. ह्या मॅचींत मुंबय सिटी एफसीच्या ललियांझुआला चांगटे हाणें बेस बरी कामगिरी केली.

आयज कोलकातांत विवेकानंद युवा भारती क्रीडांगनातं मोहन बागान सुपर जायंटस आनी बेंगळुरू एफसी हांच्या मदि खेळ जातलो. ही मॅच सांजवेळा 7.30 सावन जातली. मोहन बागान सुपर जायंटस पयल्या क्रमांकाचेर आसा. फाटल्या सात मॅचींत तांणी जैत मेळयलां. बेंगळुरू एफसी फाटल्या चार मॅचींनी हारून गुणतालिकेत तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

**Padma awards –115**

भारतीय हॉकी पंगडाचो आदलो गोलकीपर पीआर श्रीजेश आनी क्रिकेट खेळगडो रविचंद्रन अश्विन हांचो आस्पाव काल पद्म पुरस्कार 2025 खातीर नाव आशिल्ल्या पांच खेळगड्या मदीं आसा. पीआर श्रीजेशाक पद्मभूषण जाल्यार आदलो क्रिकेट खेळगडो रवी अश्विन, फुटबॉल खेळगडो आयएम विजयन आनी भारताचो पयलो पॅरालिंपिक भांगरा पदक जिखपी तिरंदाज हरविंद्र सिंग आनी पॅरा एथलेटिक्स प्रशिक्षक सत्यपाल सिंगाक पद्मश्री हो पुरस्कार दितले.पद्मभूषण हो भारत रत्न आनी पद्म विभूषण हांचे उपरांत भारताचो तिसरो सर्वोच्च नागरीक पुरस्कार. पद्मश्री हो चौथा सर्वोच्च नागरीक पुरस्कार. खंयच्याय मळार केल्ल्या विशिश्ट सेवे खातीर सरकार व्यक्तींक पद्म पुरस्कार दितात.

अंदूं वट्ट 139 जाणांक पद्म पुरस्कार दितले. हे वळेरेंत सात पद्मविभूषण, 19 पद्मभूषण आनी 113 पद्मश्री पुरस्कार आसपावीत आसात. मार्च-एप्रिलांत राष्ट्रपती भवनांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत राष्ट्रपती हे पुरस्कार भेटयतल्यो.